Aakashwani Panaji National 8.40 am

18 jan 2025

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज व्हिडियो कॉन्फरन्सिंगांतल्यान स्वामित्व येवजणे खाला पासष्ठ  लाखां वयर प्रॉपर्टी कार्ड लाबार्थ्यांक वांटतले.  धा राज्यांनी आनी दोन केंद्रीय प्रदेशांतल्या 50 हजारां वयर गांवांनी प्रॉपर्टी कार्डां वांटून दितले.  अबाडी गांव वाठारांतल्या मालमत्तेच्या मालकांक हक्कांचो अभिलेख दिवन गांवगिऱ्या भारतांतल्या अर्थीक रुपांतराक चालना दिवपाचो हे येवजणेचो हेतू आसा.  सर्वेक्षण करपा खातीर प्रगत ड्रोन तंत्रज्ञानाच्या माध्यमांतल्यान लोकांक हक्कांचो अभिलेख दिवन गांवगिऱ्या भारताची अर्थीक उदरगत वाडोवपा खातीर 2020 वर्सा स्वामित्व येवजण सुरू केल्ली. तशेंच हि येवजण  मालमत्तेच्या मुद्राकरणाक सुविधा दिता, बँक रिणां वरवीं संस्थांनी पतपुरवण मेळोवपाक सक्षम करता, मालमत्ते संबंदीत वाद उणे करतात आनी गांवगिऱ्या वाठारांनी मालमत्तेच्या बरेपणाचे मुल्यांकन आनी मालमत्ता कर वसुलीक आदार दिता. आतां मेरेन 3.17 लाखां वयर गांवांनी ड्रोन सर्वेक्षण पुराय जालां आनी लक्ष्य केल्ल्या वाठारांतल्या बयाणव  टक्के वाठारांचो आस्पाव केला. एक लाख 50 हजारां परस चड गांवां खातीर सुमार दोन कोटी 25 लाख प्रॉपर्टी कार्ड तयार केल्यात. पुडुचेरी, अंडमान आनी निकोबार जुंवे, त्रिपुरा, गोंय, उत्तराखंड, हरियाणा हांगा ही येवजण पुराय संतुष्टीचेर पावल्या. मध्य प्रदेश, उत्तर प्रदेश, छत्तीसगड, आनी जायत्या केंद्रीय प्रदेशांनीय ड्रोन सर्वेक्षण पुराय जालां.

---

संसदेचें अर्थसंकल्पीय अधिवेशन ह्या म्हयन्याच्या 31 तारखे सावन सुरू जातलें. 31 जानेवारीक राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू लोकसभा आनी राज्यसभेचे संयुक्त बसकेंत मार्गदर्शन करून अधिवेशन सुरू जातलें. अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण 1 फेब्रुवारीक केंद्रीय अर्थसंकल्प सादर करतल्यो . अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाचो पयलो भाग ह्या म्हयन्याचे 31 ते 13 फेब्रुवारी मेरेन जातलो जाल्यार अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाचो दुसरो पांवडो 10 मार्च ते 4 एप्रील मेरेन जातलो.

---

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हांणी संरक्षण आनी सुरक्षा वातावरणांत वाडत आशिल्लो तणाव पळोवन देशाचे आक्रमक आनी रक्षात्मक प्रतिसाद घटमूट करपाची गरज आसा हाचेर भर दिला. काळा प्रमाण एका देशाच्या संरक्षण दळांची गुंतागुंत वाडत आसा अशें तांणी सांगलें. काल नवी दिल्लींत 2024 वर्साक नौदल नागरीकांचें वर्स म्हणून आयोजीत केल्ल्या कार्यावळीक ते मार्गदर्शन करताले. लश्करी व्हड आज्ञापत्र आनी गुंतागुंतीची रचणूक घेवन मुखार सरता हाचेर मंत्री सिंग हाणी भर दिलो. देशभक्ती, शौर्य आनी शिस्त सैनिकांक आव्हानां पासून देशाची राखण करपाची जापसालदारकी पुराय करपाक आदार करता अशें तांणी स्पश्ट केलें. राष्ट्राची अर्थीक समृध्दी दर्यावेल्या सुरक्षे कडेन जोडिल्ली आसा, आनी उदकाची राखण करप, येरादारीचें स्वातंत्र्य सुनिश्चीत करप आनी दर्याचे मार्ग सांबाळप गरजेचें अशें तांणी सांगलें. सायबर हल्ल्यां कडेन दुर्लक्ष केल्यार घातक थारूक शकता अशें सांगून मंत्री सिंग हांणी सायबर सुरक्षा आयच्या काळांत दर्यावेल्या सुरक्षेचे म्हत्वाचे आंग अशें सांगलें.

भारतीय रिझर्व्ह बँकेन बँकांक नव्या आनी सद्याच्या सगळ्या गिरायकांच्या ठेवी खात्यांत आनी सुरक्षीत लॉकरांत नामांकन सुनिश्चीत करपाक सांगलां. व्हड संख्येन खात्यांत नामांकनां नात हें स्पश्ट केलां. नामांकन सुविधेचो हेतू म्हळ्यार कश्ट उणे करप आनी ठेवीदाराच्या मरणा उपरांत कुटुंबांतल्या वांगड्यांचे दावे बेगीन निवळावप.काल जारी केल्ले अधिसुचोवणेंत रिझर्व्ह बँकेन बँक मंडळांच्या गिरायक सेवा समिती कडेन नामांकन कव्हरेजाचो वेळोवेळ नियाळ घेवपाक सांगलां. तशेंच अंदू 31 मार्चा सावन सुरू जावपी त्रैमासिक तत्वाचेर आरबीआयच्या दक्ष पोर्टलाचेर प्रगतीची म्हायती दिवची पडटली. नामांकन मेळोवपा खातीर तशेंच मेल्ल्या मतदारांचे दावे योग्य रितीन हाताळपा खातीर आनी नामांकीत वा कायदेशीर वारसदारां कडेन वेव्हार करपा खातीर फ्रंटलायन कर्मचाऱ्यांक योग्य रितीन संवेदनशील करपाक बँकांक फुडें आरबीआयन कळयला. हालींच्या देखरेखीच्या मुल्यांकनांतल्यान व्हड संख्येन ठेवी खात्यांत नामांकन मेळना अशें उक्तें जालां अशें सांगून सगळ्या पात्र गिरायक खात्यांचो पुराय

कव्हरेज मेळोवपा खातीर नियतकालिक मोहीम सुरू करपा सयत वेगवेगळ्या माध्यमांतल्यान नामांकन सुविधा वापरपाचो फायदो जाहीर करपाक आरबीआयन बँकांक सांगलां.

---

अर्थीक वेव्हार मंत्रीमंडळ समितीन सीसीईएन राष्ट्रीय इस्पत निगम लिमिटेड कंपनी खातीर 11 हजार 440 कोटी रुपयांच्या पुनरुज्जीवन पॅकेजीक मान्यताय दिल्या . कालचे मंत्रीमंडळ बसकेंत पुनरुज्जीवन पॅकेज मंजूर जाला अशें म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी काल नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमाक सांगलें. आंध्र प्रदेशांत आशिल्ली देशांतल्या तिख्या क्षेत्रांतली आरआयएनएल ही म्हत्वाची कंपनी अशें तांणी सांगलें.

---

70 वांगड्यांच्या दिल्ली विधानसभेखातीर उमेदवारी दाखल करपाची प्रक्रिया काल सोंपली आनी हजारां वयर उमेदवारांनी, आपली उमेदवारी सादर केली. उमेदवारी सोंपतकच आम आदमी पार्टी, भाजपा, काँग्रेस तशेंच ल्हान पक्ष आनी अपक्ष उमेदवारांनी पदयात्रां आनी दारां दारांत बसका घेवन, आपल्याक तेंको मेळोवपा खातीर, आपली मोहीम चड खर केल्या. फुडल्या म्हयन्याचे पांच तारखेक मतदान जातलें आनी 8 फेब्रुवारीक निकाल जातलो.

---

रशियन सैन्यांत काम करपी वट्ट 12 भारतीय नागरिकांक मरण आयलां आनी अजून 16 जाण बेपत्ता आसात. काल नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना, परराश्ट्र मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जायसवाल हांणी सांगलें, कि आतां मेरेन रशियन सैन्यांत काम करपी 96 भारतीय नागरिक परतून आयल्यात आनी रशियन सैन्यान तांकां डिस्चार्ज दिला. बांगलादेशाचे परिस्थितीचेर उलयतना, भारताक बांगलादेशाकडेन इश्टागतीचे संबंद जाय, अशें जायसवाल हांणी सांगलें. अमेरिकेचे वेंचून आयिल्लो राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांच्या सोपूत सुवाळ्यांत, परराश्ट्र मंत्री डॉ एस जयशंकर भारताचें प्रतिनिधित्व करतले, अशीय म्हायती जयसवाल हांणी दिली.

---

गिरायकांक परवपी आनी स्थीर दर तिगोवन दवरपा खातीर गरजेच्या अन्नधान्याच्या वस्तूंचे दर आनी उपलब्धतायेचेर केंद्रान बारीकसाणेन नदर दवरल्या. गरजेच्या अन्नधान्याच्या वस्तूंची उपलब्धताय आनी परवडपा सारकी खात्री करपा खातीर देशी उत्पादनाक प्रोत्साहन दिवप अशे जायते उपाय सरकारान केल्यात अशें गिरायक वेव्हार अन्न आनी भौशीक वितरण मंत्रालयान सांगलां. फाटल्या अर्थीक वर्साच्या तुळेंत ह्या अर्थीक वर्सा दाळ आनी कांद्याचें उत्पादन वाडटलें असो अदमास मंत्रालयान दिला. तुर उत्पादन 35 लाख मेट्रीक टन वयर आसा जे फाटल्या वर्साच्या 34 लाख मेट्रीक टन उत्पादनापरस 2.5 टक्क्यांनी चड आसा. मूंग उत्पादन फाटल्या वर्सा 11.54 लाख मेट्रीक टन जाल्लें तें 13.83 लाख मेट्रीक टन आसा असो अदमास आसा. चड पेरणीक लागून खरीफ कांद्याचें उत्पादन बरें जालां असो अदमास मंत्रालयान सांगला. तेच प्रमाण रबी कांद्याची पेरणी बरीच फुडें वचत आयल्या. अनुकूल हवामानाक लागून बटाटाची पेरणी बरीच फुडें वता अशें सांगलां.

---

उत्तर प्रदेशांतल्या प्रयागराजांत चालू आशिल्ल्या महाकुंभाक विक्रमी संख्येन भक्त जमल्यात. सगळे त्रिवेणी संगमांत एकठांय येवन पवित्र बुडटी घेतात. लाखांनी लोकांच्या ह्या भव्य मंडळीन शाराक अफाट अभिमान हाडला आनी थळाव्या अर्थवेवस्थेक आनी वेवसायांक व्हड उर्बा दिल्या. जेवण, कपडे, कंबला, रजाई, गादयो आनी इलेक्ट्रॉनिक्स ह्या उद्देगांनी विक्रींत 30 ते 40 टक्क्यांनी वाड जाली. भव्य कार्यावळ फुडें वता तशी ती 50 टक्क्यां मेरेन पावतली अशें अदमास आसा. महाकुंभ सुरू जालां तरी शारांतल्या किरकोळ आनी ठोक वेवसायांत पयलींच दोन ते तीन पटींनी वाड जाल्या. हॉटेल उद्देग , किरकोळ वेवसाय वा कापड उद्देग , फाटल्या सप्तकांत सगळ्या क्षेत्रांनी म्हत्वाची वाड जाल्या. मौनी अमावस्याच्या दिसा वेपाऱ्यांक आनीकय चड विक्री मेळटली अशी आस्त बाळगितात. महाकुंभ जसो जसो फुडें वता तसो तसो वेपारांत आनीक वाड जावपाची शक्यताय आसा. महाकुंभ 2025 ह्या वर्सा दोन लाख कोटी रुपयांची येणावळ मेळटली अशें अदमास आसा.

भारतीय हवामान खात्यान आयज पंजाब, हरियाणा, राजस्थान आनी चंडीगढांतल्या जायत्या वाठारांनी रातच्या वेळार आनी सकाळीं दाट ते खूब दाट धुकें पडटलें असो अदमास उक्तायला . दुसऱ्या दिसा हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड, अस्तंत बंगाल, ओडिशा, मध्य प्रदेश, आनी ईशान्य राज्यांनी अशीच परिस्थिती येवपाची शक्यताय आसा.

---

इंडिया ओपन बॅडमिंटन सर्तींत आयज सांजे, नवी दिल्लीच्या के.डी.जाधव इंडोर स्टेडियमांत जावपी सेमीफायनल मॅचींत भारतीय दादल्यांची दोट्टी जोडी चिराग शेट्टी आनी सात्विक सैराज रांकिरेडी, गोह से फी आनी नूर इज्जुद्दीन ह्या तिसऱ्या क्रमांकाच्या मलेशियान जोडये आड झुजतली.